**<u>संजय विशेंश शिक्षण केंद्राची ब्रेन व्हिटा प्रस्नोत्तरी सर्त फुडें धुकल्ली</u>**

ता. 13 डिसेंबर 2019

पर्वरीच्या संजय विशेंश शिक्षण केंद्रान ता. 13 डिसेंबर 2019 दिसा दवरिल्ली "ब्रेन व्हिटा" ही अखिल गोंय प्रस्नोत्तरी सर्त फुडें धुकल्ल्या आनी आता ही सर्त ता. 17 डिसेंबर दिसा सकाळी 8.30 ते दनपारा 2.00 वरांमजगती दवरल्या. ह्या प्रस्नोत्तरी सर्तीत 14 वर्सा आनी वयल्या पिरायेचे आनी शिकपाच्या बाबतीत दिव्यांग आशिल्ले विद्यार्थी सहभागी जातले. एल. डी. सामंत मेमोरीयल हायस्कुल, पर्वरी, मुस्टीफंड हायस्कुल, कुजीरा बांबोळी, छब्बी चिक्स हायस्कुल, पर्वरी, संजय स्कुल, वास्को, संजय स्कुल, कुडचडे, डॉनबॉस्को, पणजी, होली क्रॉस, बस्तोडा, फेरीलॅण्ड हायस्कुल, पर्वरी आनी लोकविश्वास प्रतिष्ठान हायस्कुल, ढवळी- फोंडे ह्यो शाळां सहभागी जातल्यो.

डॉ. पद्मनाभ राताबोली हे क्विज मास्टर आसतले. संजय विशेंश शिक्षण केंद्राचे अध्यक्ष श्री. गुरूप्रसाद पावसकर आनी केंद्राच्यो वांगडी सचिव श्रीमती शेरू शिरोडकर हांचीय ह्या स्पर्धवेळार उपस्थिती आसतली.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/861